Panaji National 10th April 2026 8.40am

आसाम, केरळ आनी पुद्दुचेरीं विधानसभा वेंचणुको, तशेंच तीन राज्यांतल्या चार विधानसभा मतदारसंघांतल्या पोट-वेंचणुकां खातीर काल शांततायेन मतदान जाले. अस्तंत बंगाल आनी तमिळनाडूंत प्रचारान नेट घेतला. वेग वेगळ्या पक्षांचे मुखेल फुडारी आपल्या उमेदवारांच्या समर्थनार्थ रॅली घेतात.
अमेरिके आनी इराण हांचे मदल्या झुजबंदी कराराचो लेबनान हो भाग न्हय अशें इझ्राएलान सांगलें.

ECI-ASSEMBLY ELECTIONS POLLING –
आसाम, केरळ आनी केंद्र शासित प्रदेश पुडुचेरीतल्या विधानसभा वेंचणुके खातीर काल शांततायेन मतदान जालें. आसामांत 126, केरळांत 140 आनी पुडुचेरींत 30 मतदार संघानी मतदान जाले.
आसामांत 85.38 टक्के टक्के मतदान जालें.
केरळांत 78.03 टक्के मतदानाची नोंद जाल्या. केंद्र शासित प्रदेश पुडुचेरीत 89.83 टक्के मतदानाची नोंद जाल्या.
मुखेल वेचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार, वेचणूक आयुक्त डॉ. एस. एस. संधू आनी डॉ. विवेक जोशी हांणी थेट वेबकास्टींग वरवीं मतदानाचे प्रक्रियेचेर नदर दवरली. ह्या वाठारांतल्या सगळ्या मतदान केंद्रांचेर पयलेच खेपे अशी सुविधा कार्यान्वित केल्ली.
Elections –
मजगतीं, अस्तंत बंगाल आनी तमिळनाडूंत प्रचारान नेट घेतला. भारतीय जनता पक्षाचे वरिश्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल अस्तंत बंगालांतल्या हल्दिया, आसनसोल, आनी सूरी हांगाच्या परिवर्तन संकल्प रॅलींत उलोवप केलें. पुराय देश नेटान फुडें वता आसतना तृणमूल काँग्रेस सरकारान बंगालाक फाटीं ओडलां अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.भ्रष्टाचाराच्या सगळ्या प्रकरणांची चौकशी जातली, संविधानीक हक्कांचें राखण जातली आनी राज्य सरकारी कर्मचारी तशेंच शिक्षकां खातीर सातवो वेतन आयोग लागू करतले, असे आश्वासन तांणी दिले. आपल्या प्रचाराचो भाग म्हूण प्रधानमंत्र्यांनी आसनसोलांत एका व्हड 'रोडशो'त वांटो घेतलो.

तृणमूल काँग्रेसच्यो मुखेली आनी मुख्यमंत्री ममता बॅनर्जी हांणी सांगलें, 'विशेश गहन पुनरीक्षण' (SIR) वरवीं मतदार सुचींतल्यान ९० लाखां परस चड नांवां काडून बंगालचेर ताबो मेळोवपाचे भारतीय जनता पार्टीचे कथित प्रयत्न आसून लेगीत, तांचो पक्ष येवपी वेंचणुकेंत जैत मेळयतलो. मीनाखानांत भौशीक बसकेंत उलयतना मुख्यमंत्र्यानि दावो केलो कि मतदार वळेरेंतल्यान सगळ्या धर्मांतल्या आनी समुदायांतल्या लोकांचीं नांवां काडून उडयल्यात.

तामिळनाडूत वेंचणूक प्रचार नेटान सुरू आसा. स्टार प्रचारक, भाजपचे वडील फुडारी आनी केंद्रीय मंत्री पियुष गोयल, डॉ. एल. मुरुगन आनी अन्नामलाई हे NDA आघाडी खातीर मतदारांक आकर्षित करपाचे प्रयत्न करतात. दुसऱ्या वटेन AIADMK फुडारी एडप्पाडी पलानीस्वामी, DMK मुखेली आनी तामिळनाडूचे मुख्यमंत्री एम. के. स्टालिन, उदयनिधी स्टालिन, प्रेमलता विजयकांत, डॉ. अंबुमणी, कनिमोझी आनी हेर जायते फुडारी आपल्या पक्षां खातीर मत मेळोवपा खातीर पुराय राज्यांत दौरे करतात.

PM –

भारतीय लोकशाय चड जिवंत आनी सहभागी करपा खातीर विधीमंडळांत बायलां खातीर आरक्षण ही काळाची गरज आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.

CPA

संवसार संसदीय लोकशायीक सर्वोत्तम शासन वेवस्था म्हूण मान्यताय दिता आनी विकसीत भारताचे ध्येय साध्य करपाची व्हड जापसालदारकी तरणाट्या लोक प्रतिनिधींचेर आसा अशें लोकसभेचे सभापती ओम बिर्ला हांणी सांगलें . काल मिरामार पणजी हांगा आयोजीत कॉमनवेल्थ पार्लमेंटरी असोसिएशन (सीपीए), भारत विभाग, झोन-७ (अस्तंत विभाग) परिशदेचे उक्तावण केले उपरांत ते उलयताले.

Iran –

अस्तंत आशियांत दोन सप्तकांचो नाजूक युद्धविराम काल चड करून तिगून आशिल्ल्याचें दिसलें. पूण झुजाच्या ह्या सध्याच्या टप्प्यांत इस्रायलान लेबेनानचेर केल्ल्या सगळ्यांत व्हड्या हल्ल्या उपरांत तणाव वाडला.

बैरूत आनी दक्षिण लेबेनानच्या दाट वस्तीच्या वाठारांत इस्रायलान केल्ल्या हवाई हल्ल्यांत शेकड्यांनी लोक मेल्याची वा जखमी जाल्ल्याची खबर आसा, जाका लागून आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार खर निशेद व्यक्त जाता. लेबेनान हो झुजविरामाच्या कराराचो भाग आसा अशें इराण म्हणटा, जाल्यार हो करार फकत अमेरिका आनी इराण हांच्यातल्या थेट संघर्षाक लागू जाता, असो दावा अमेरिका आनी इस्रायलान केला. हिजबूल्लान इस्रायली शिमे वटेनच्या वाठारांत रॉकेट हल्ले केले, जाका लागून उत्तर इस्रायलांत सायरन वाजूंक लागले, तरीय आदल्या दिसांच्या तुळनेंत हे हल्ले मर्यादीत आशिल्ले. अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलें, जो मेरेन इराण बरोबर पुराय करार जाय मेरेन अमेरिकन सैन्य थंयच उरतले.

Israel –
लेबनाना बरोबर बेगीनात बेगीन थेट वाटाघाटी सुरू करपाचे निर्देश आपल्या मंत्रीमंडळाक दिल्या अशें इझ्राएलाचे प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतन्याहू हांणी सांगलें. लेबाननांत युद्धविराम ना अशेंय नेतन्याहू हांणी सांगलें. उत्तर इझ्राएलांत सुरक्षा परतून येय मेरेन इझ्राएल हिजबूल्लाचेर हल्लो करतलो अशें तांणी व्हिडियो निवेदनांत म्हणलां. मजगतीं, काल जाल्ल्या इस्रायली हल्ल्यांत मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 303 जाला अशें लेबनानाच्या भलायकी मंत्रालयान सांगलां.

Inter-min –
देशांतल्या गरजेच्या फार्मा इनपुटांची अखंड पुरवण सुनिश्चित करपा खातीर संबधीत विभाग समन्वयान काम करतात अशे फार्मास्युटिकल्स विभागाचे जोड सचिव, सत्यप्रकाश टी. एल. हांणी सांगलें. अस्तंत आशियांतल्या संकटाचेर काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या आंतर-मंत्रालयीन ब्रीफिंग वेळार ते उलयताले. ह्या संकश्टाक लागून फार्मा इनपुटांच्या जागतिक पुरवण साखळेर परिणाम जाला अशे सत्यप्रकाश हांणी सांगलें. जागतिक पुरवण साखळेत व्यत्यय येवन लेगीत वखदां आनी फार्मास्युटिकल्सच्या मोलांत कसलीच मोठी वाड जावंक ना अशे तांणी मुखार सांगले. फार्मा उद्देगाक आदार दिवपा खातीर आनी इनपुटांची उपलब्धताय तिगोवन दवरपा खातीर सरकारान 40 पेट्रोकेमिकल उत्पादनांचेर कस्टम ड्यूटी शून्य केल्या अशें तांणी अधोरेखित केलें.

"ग्रीन आशा" हें भारतीय ध्वज आशिल्लें जहाज LPG घेवन नवी मुंबयच्या JNPA बंदराचेर सुखरूप पाविल्ल्याची म्हायती बंदरां, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग मंत्रालयाचे अतिरिक्त सचीव मुकेश मंगल हांणी दिली. ह्या जहाजान हे म्हयन्याचे ५ तारखेर होरमुझ सामुद्रधुनीं पार केल्ली. अस्तंत आशियांतल्या सध्याच्या परिस्थितीक लागून मंत्रालय परराश्ट्र मंत्रालय आनी भारतीय दूतावासाच्या समन्वयान आखाती वाठारांतल्या परिस्थितीचेर सक्रीयपणांन नदर दवरून आसा अशें मंगल हांणी सांगलें.

सरकार देशांतल्या घरगुती वापरा खातीर LPGची १०० टक्के पुरवण सुनिश्चित करता अशें पेट्रोलियम आनी नैसर्गीक वायू मंत्रालयाच्यो जोड सचिव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें. एलपीजी वितरकांकडे खंयच उणाव जाल्ल्याची नोंद ना, अशेंय तांणी मुखार सांगलें. OTP आधारित एलपीजी वितरणाचें प्रमाण ९२ टक्क्यांचेर पावलां आनी ऑनलायन बुकींग ९८ टक्क्यांचेर पावलां, हाचेर तांणी भर दिलो. सरकारान PNG जोडून्यो लेगीत वाडयल्यात आनी ४ लाखां परस चड नव्या गिरायकांची नोंदणी जाल्या, अशें तांणी सांगलें. देशांत कच्च्या तेलाचो फावो तो साठो आसा आनी तेल refineries पुराय क्षमतेन काम करतात, अशेंय तांणी सांगलें.

Law Justice –

'स्वच्छता पखवाडा' निमित्तान, कायदो आनी न्याय मंत्रालयाच्या विधी विभागान काल नवी दिल्लींत 'वेस्ट टू वेल्थ' ह्या विशयाचेर एका कार्यशाळेचें आयोजन केल्लें. मंत्रालयान सांगलें की, शाश्वत पद्धतींक प्रोत्साहन दिवप आनी कोयराचें रूपांतर मोलादीक उत्पादनांनी करपाचे नवोन्मेशी मार्ग सोदप हो ह्या कार्यशाळेचो उद्देश आशिल्लो. कार्यशाळेच्या काळांत, कोयराचें उपयोगाच्या वस्तूंत कशें प्रभावीपणान रुपांतर करूं येता, हाचेर तज्ञांनी सविस्तर मार्गदर्शन केलें. हातूंत प्लॅस्टीक बाटल्यां पसून तयार केल्ल्यो hanging planters या सारक्या प्रयोगांचें प्रात्यक्षिकूय दाखयलें.

Solar –

भारतान अर्थीक वर्स २०२५-२६ त सुमार ४५ गिगावॅट इतली आतां मेरेनची सगळ्यांत चड वार्षिक सौर ऊर्जा क्षमता वाड नोंद केल्या.

सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत केंद्रीय नवी आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी सांगलें, ही कामगिरी ऊर्जा सुरक्षा, शाश्वत विकास आनी विकसीत भारत'च्या संकल्पनेप्रती भारताची अटूट वचनबद्धता दाखयता. राजस्थान, गुजरात आनी महाराष्ट्रान ह्या असाधारण प्रगतीचें फुडारपण केलां, जाका लागून भारत निवळ, हरित आनी चड आत्मनिर्भर फुडारा वटेन मुखार सरता अशे तांणी सांगले.

IMD –
भारतीय हवामान खात्यान आयज अरुणाचल प्रदेशात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच आसाम, मेघालय, ओडिशा, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांचेर वीज आनी वादळी वारें वांगडा गडगड येतले अशें सांगलां.
आयपीएल -

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल कोलकातातल्या ईडन गार्डन्स मैदानाचेर जाल्ल्या खेळात लखनऊ सुपर जायंट्स पंगडान कोलकाता नाइट रायडर्स पंगडाक ३ गड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडान निर्धारित २० षटकांत ४ बाद १८१ धावंड्यो केल्यो.

उपरांत जैताखातीर आशिल्ले १८२ धावांचे मोख, लखनऊ सुपर जायंट्स पंगडान निमण्या शटकात पूराय केले. आयज गुवाहाटीत राजस्थान रॉयल्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स बँगलोर पंगडामदी  खेळ सांजे ७.३०क जातलो.